**गोंय नितळ आनी सोबीत दवरप हे प्रत्येकाचें कर्तव्य- मुख्यमंत्री**

ता. 6 जानेवारी 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गांवच्या वाठारांनी वाडत वचपी कोयराच्या राशिंविशीं हुस्को उक्तावन कांय लोक आपल्या वैयक्तिक फायद्याखातीर उद्देजक आनी हॉटेलमालकांक गावांतल्या वाठारांनी कोयर उडोवपाक परवानगी दितात आनी ताका लागून गावांची सैमीक सोबितकाय इबाडटा, तशेंच फुडारांत ताचे वायट परिणाम भोगचे पडटले, अशें सांगलें.

डॉ. सावंत आयज गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळान मल्टिपर्पज हॉल, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा कोयर वेवस्थापनाचेर आयोजीत एका दिसाच्या कार्यशाळेच्या उक्तावणाच्या कार्यक्रमात उलयताले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणलें, अशा तरेन वचत थंय कोयराच्यो राशीं करून पर्यावरणाचो इबाड करीत जाल्यार येणाऱ्या काळात गोंयांत पर्यटक येवपाचे बंद जातले आनी ताचे आमकाच लुकसाण जातले, ते खातीर गोंय नितळ आनी सोबीत दवरप ही आमची जबाबदारी आसा. गोंय हे सैमीक सोबितकायेखातीर फामाद आसा. सरकार कोयर वेवस्थापनाखातीर सुमार 160 कोटी रूपया खर्च करता. कोयर वेवस्थापनाखातीर कसलीय तांत्रिक वा पैशांची मदत करपाक सरकाराची तयारी आसा, पुण आमचे गांव नितळ दवरप ही आमची जबाबदारी आनी कर्तव्य आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

रस्त्याकुशीक कोणीय कोयर उडयताना दिसल्यार संबंदीत पंचायतींनी योग्य कारवाय करपाक मुख्यमंत्र्यान सांगलें. गोंय कोयरमुक्त राज्य करपा खातीर सरकारान पावलां उखल्ल्यात आनी वेगवेगळ्या प्रकारच्या कोयराच्या वेवस्थापनाखातीर उपाय केल्यात. साळगांवचो कोयर वेवस्थापन प्रकल्प हो आशियातलो सगळ्या व्हड घनकोयर वेवस्थापन प्रकल्प आसा. गोंयात जैव वैजकीय, रसायनिक, उद्देगीक, बांदकांम आनी ई-कोयराच्या वेवस्थापनाखातीर

सुविधा आसा.  कुंडय हांगाचो बायो मेडिकल कोयर प्रक्रिया प्रकल्प एक म्हत्वाचो कोयर वेवस्थापन प्रकल्प आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

ह्या वेळार गोंय लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष श्री. जुजे मान्युएल नोरोन्हा; विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन सचीव श्री रमेश वर्मा,  गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक डॉ लेव्हिन्सन मार्टिन्स, पर्यावरण शिक्षण केंद्राचे शास्त्रज्ञ श्री. सुजीतकुमार डोंगरे, डॉ.विवेक अगरवाल, डॉ.शरद काळे आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

सुरूवातीक डॉ लेव्हिन्सन मार्टिन्स हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री संजीव जोगळेकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/32

-- -- ----

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji